# आंतरराज्य युवा देवाणघेवाण कार्यक्रमा खातीर निवड चाचणी

ता. 2 जुलय 2025

कुरूक्षेत्र, हरयाणा हांगा 23 ते 26 जुलय 2025 मेरेन आयोजीत करपात येवपी आंतरराज्य युवा देवाणघेवाण कार्यक्रमात वाटो घेवपाक युवकांची निवड करपा खातीर खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालया वतीन निवड चाचणी आयोजीत करपात येतली.

पंगड लोकनाच, पंगड लोकगीत आनी वक्तृत्व सर्तीखातीर ता. 10 जुलय 2025 दिसा मिनेझिस ब्रागांझा संस्था, पणजी हांगा निवड चाचणी आयोजीत करपात येतली. 15 ते 29 वर्सां पिरायेचे युवक निवड चाचणी खातीर पात्र आसात.

विहित नमुन्यातले अर्ज, नेम आनी अटी विशीं म्हायती www.dysa.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसात. प्रवेशीका अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 9 जुलय 2025 आसा. अदीक म्हायती खातीर एपीईओ श्रीमती सिंथिया सिक्केरा, मो. नं. 9823393657 हांचे लागी संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/576

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.